नाटीका सादरीकरण सर्तीत बंदर कप्तान खातें पयले सुवातेर

पणजीः ता. ०६ ऑक्टोंबर २०१८ आश्विन १४, १९४०

राज्य कुटुंब कल्याण ब्युरो, भलायकी सेवा संचालनालयान (सरकारी कर्मचार्यांर खातीर) आयज इंन्स्टीट्युट मिनेझीस गांझा सभाघर पणजी हांगा आयोजीत केल्ल्या नाटीका सर्तीत बंदर कप्तान खात्यान पयली सुवात मेळयली. माहिती आनी प्रसिद्धी खात्यान दुसरी जाल्यार उपजिल्लो इस्पितळ, फोंडे हांणी तिसरी सुवात मेळयली. डॉ. वदंना धुमे, मुख्य वैजकी अधिकारी हांणी वांटेकार जाल्ल्या कर्मचार्यां चे अभिनंदन करुन अशा तरेच्यो सर्ती आयोजीत केल्ल्यान कर्मचार्यां च्या आंगात आशिल्ले गुण भायर हाडपाक मजत करता अशें सांगलें.

लिंग असमानता विशींचें मुद्यांचेर लक्ष कैंद्रीत करचे खातीर दरवर्सा ११ऑक्टोबर हो आंतरराष्ट्रीय चली दीस म्हूण मनयतात. राज्य कुटुंब कल्याण ब्युरो, भलायकी सेवा संचालनालयान उत्तर आनी दक्षिण जिल्लोधिकार्यायच्या कार्यालया वांगडान बेटी बचावो बेटी पढावो ह्या माथाळ्या खाला विंगड विंगड सर्ती आयोजीत केल्ल्यात.

श्री. धर्मानंद वेर्णेकर, डॉ. गौरेश गांजेकर आनी श्री. समीर गडेकर सर्तीचे परिक्षक आशिल्ले. ११ऑक्टोबर २०१८ ह्या आंतराष्ट्रीय चली दिसा राज्य पांवड्या वयल्या कार्यक्रमांत ही इनामां भेटयतले.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/अगा/२०१८/१६२९